राजश्री कामत राष्ट्रीय खबरो

08.07.2025 @ 8.40 am

मुखेल खबरो

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळी ब्राझीलच्या त्यांच्या राजकीय दौऱ्या खातीर ब्राझीलिया पावले

देशांतल्या वेगवेगळ्या शारांतल्यान बिहाराक बेगीनूच चार नवी अमृत भारत गाडयो सुरू करतले अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी जाहीर केलां.

केंद्रीय भलायकी मंत्री जे. पी. नड्डा हाणी म्हळा की, देश सगळ्यां खातीर सुलभ, परवडपी आणि समान भलायकीसेवा या आपल्या स्वप्नाक साध्य करपाक सज्ज आसा

क्रिकेटांत भारताच्या 19 वर्सां सकयल्या पंगडान इंग्लंडा आड 5 मॅचींच्या युवा एका दिसाच्या खेळामाळेंत 3-2 अशे जैत जोडले

फुडले चार दीस अस्तंत दर्यादेगे सयत देशाच्या वायव्य भागात व्हड ते खूब घोंगयाणी पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

मोदी 250

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळी ब्राझीलच्या त्यांच्या राजकीय दौऱ्या खातीर ब्राझीलिया पावले. विमानतळार ब्राझीलचे संरक्षण मंत्री जोस मुसिओ मोंटेइरो फिल्हो हांणी तांका येवकार दिलो. ६-७ जुलै क रिओ दि जानेरोतल्या दोन दिसांच्या ब्रिक्स शिखर परिषदेत वाटेकार जाले उपरांत ते ब्राझीलियाक पावल्यात. परराष्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयस्वाल हांणी सोशल मीडियार सांगले की, भारत-ब्राझील दृढ भागीदारीत नवीन प्रगती जाता. पारंपारिक ब्राझीलियन सांबा रेगे सादरीकरणान प्रधान मंत्री मोदींचे स्वागत संगीतमय जाले. मोदी लुईझ इनासिओ लुला दा सिल्वा हांचे वांगडा परस्पर हिताच्या क्षेत्रात दोनुय देशांमदली धोरणात्मक भागीदारी वा डोवपा विशी द्विपक्षीय चर्चा करतले. या चर्चेत व्यापार, संरक्षण, ऊर्जा, अंतराळ, तंत्रज्ञान, शेती,भलायकी आणि लोक-ते-लोक संबंध हायो आसपाव आसतलो समावेश असेल. तशेच काय समजी कायेच्यो कबलतीय जातल्यो अशे ताणी सांगले.ब्राझीलातले भारतीय राजदूत दिनेश भाटिया हाणी माहिती दिली की प्रधानमंत्र्याच्या द्विपक्षीय बास्केत चार समजीकायेच्यो कबलतीचेर सय जातली.

पांच राश्ट्रांच्या भोंवडेच्या निमाण्या टप्प्यांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नामिबियचे अध्यक्ष नेतुम्बो नंदी-दैतवाहाच्या आमंत्रणा प्रमाण नामिबियाच्या विंडहोक शारांत पावतले. प्रधानमंत्री मोदीची ही पयलीच नामिबिया भेट आनी भारताची प्रधानमंत्री म्हणून नामिबियाची तिसरी भेट आसतली. ब्राझीलांतले भारतीय राजदूत दिनेश भाटिया हांणी सांगलें, की दोनूय देशांनी चार कबलती करपाची शक्यताय आसा. तातूंत नवीकरणीय उर्जा, आतंकवाद विरोधी कबलात आनी भारतीय शेतकी संशोधन मंडळ (आयसीएआर) आनी ब्राझीलाची एम्ब्रापा हांचेमदीं शेतकी संशोधन आनी गुप्त म्हायतीचो आदान-प्रदान आनी परस्पर संरक्षण हांचेविशीं कबलात हांचो आस्पाव जाता.

आमच्या खबराकाराच्या म्हणण्या प्रमाण, द्विपक्षीय संबंदांची व्याप्ती वाडोवप आनी हायड्रोकार्बन, दुर्मिळ पृथ्वी साहित्य आनी एकत्रीत फारीकणी परस्पर संचालनक्षमताय अशा वेगवेगळ्या मुखेल क्षेत्रांनी सहकार्याच्या नव्या वाठारांचो सोद घेवप हो ह्या भेटीचो हेत आसा

ब्रिक्स 60

ब्रिक्स फुडाऱ्यांनी केल्या घोषणेन जागतिक दक्षिणेच्या चडशा चिंतांक आळाबंद घाला  अशे भारतान म्हणला. रिओ दि जानेरोत जाल्या ब्रिक्स शिखर परिषदेच्या पयल्या दिसाच्या समाप्तीउपरांत माध्यमांकडे उलयताना परराष्ट्र मंत्रालयातले आर्थिक संबंध सचिव दाम्मू रवी हाणी म्हणले की, प्रधान मंत्री मोदींनी बहुपक्षीय जागतिक संघटनांमदी सुधारणांची गरज ठामपणान मांडली. २१ व्या शतकातल्या आव्हानांना फुडो करपाची क्षमता नाशिल्या आणि बहुध्रुवीय आणि समावेशक जागतिक व्यवस्थेच्या गरजेबद्दल मोदींनी जे म्हणील्ले ताचो ताणी उगडास केलो **Byte ravi damu on brics**

अश्विनी 80

देशांतल्या वेगवेगळ्या शारांतल्यान बिहाराक बेगीनूच चार नवी अमृत भारत गाडयो सुरू करतले अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी जाहीर केलां. कितल्याशाच रेल्वे प्रकल्पांचें उक्तावण करपा खातीर बिहारांत आईले वैष्णव हांणी सांगलें,की  नवी दिल्ली-पटना, दरभंगा-लखनौ, मालदा टाउन-लखनौ आनी सहरसा-अमृतसर हांचे मदीं चार अमृत भारत गाडयो चलतलीं. बिहाराच्या समस्तीपूर रेल्वे विभागांतल्या कर्पूरीग्राम स्टेशन संकुलांत तांणी बुन्याद घाली  आनी जायत्या म्हत्वाच्या प्रकल्पांचें उक्तावण केलें. वैष्णव हाणी  पाटणांतल्या दीघा ब्रिज हाल्टाचीय पळोवणी करून प्रवाशांची सुविधा, प्लॅटफॉर्माची नितळसाण आनी लायटी आनी सुरक्षा वेवस्थेचो सविस्तर नियाळ घेतलो.

Sitraman 110

समावेशक बहुपक्षीयतायेक चालना दिवपा खातीर ब्रिक्स ही  एक म्हत्वाचो माची  आसा आनी खास करून संवसारीक संस्थांक कायदेशीरपण आनी प्रतिनिधीत्वाचे संकश्ट येता तेन्ना तांणी सहकार घटमूट करून, विस्वासपात्र सुदारणांचो प्रसार करून आनी जागतीक दक्षिणेचो आवाज वाडोवन उदाहरण दिवून फुडाकार घेवचो अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें. काल रिओ द जानैरु हांगा जाल्ले ब्रिक्स अर्थमंत्री आनी केंद्रीय बँक गव्हर्नरांचे बसकेंत उलयतना तिणें भारतान घटमूट देशांतर्गत मागणी, विवेकबुद्दीन स्थूल अर्थीक वेवस्थापन आनी लक्ष्य केल्ल्या अर्थीक उपायांच्या संयोगान दाखयल्ल्या लवचीकपणाचेर भर दिलो. वेपार आनी अर्थीक मंजुरींक भारताच्या धोरणात्मक प्रतिसादांत बाजारपेठेंत विविधताय हाडप, मुळाव्या साधनसुविधा फुडारपणा खाला वाड करप आनी स्पर्धात्मकता आनी उत्पादकता वाडोवपाचो हेतू आशिल्लीं संरचनात्मक सुदारणां चालीक लावप हाचेर भर दिला अशें अर्थमंत्री सीतारमण हांणी फुडें सांगलें.

सोनोवाल 70

केंद्रीय बंदर, जहाजबांधणी आणि जलमार्ग मंत्री, सर्वानंद सोनोवाल यांनी ईशान्येकडच्या प्रदेशातले जलमार्ग आणि सागरी क्षेत्राक चालना दिवपाक पाच हजार कोटी रुपयांच्या उपक्रमांची घोषणा केली. गुवाहाटीत पत्रकारांकडे बोल उलयताना त्यांनी प्रमुख बंदर विस्तार, वाढती क्रूझ पर्यटन आणि सागरी रोजगारां खातीर ५०,००० तरणाट्यांक प्रशिक्षित करपाच्या योजनाचेर उजवाड घालो.३०० कोटी रुपयांच्या गुंतवणुकीतल्यान सिलघाट, नियामती, विश्वनाथ घाट आणि गुइजान हांगा नवीन पर्यटन आणि मालवाहू जेट्टी बांधतले. गुवाहाटी, तेजपूर आणि दिब्रूगड हांगा वॉटर मेट्रो प्रकल्पांचे नियोजन आसा

नड्डा 100

केंद्रीय भलायकी मंत्री जे. पी. नड्डा हाणी म्हळा की, देश सगळ्यां खातीर सुलभ, परवड पी आणि समान भलायकीसेवा या आपल्या स्वप्नाक साध्य करपाक सज्ज आसा. ताणी सगळ्यां खातीर सुलभ, परवड पी आणि समान भलायकी सेवेकडे देशाच्या प्रगतीचेर भर दिलो. मंत्र्यान म्हणले की, एक लाख ७७ हजारांपरस चड आयुष्मान भलायकी केंद्र समुदायांम्हयांत भलायकी सेवा पावयताआणि ई-संजीवनी आणि टेलिमानस सारख्या प्लॅटफॉर्मन तज्ञांच्या सेवेची उपलब्धता लोकशाहीकृत केल्या. मिशन इंद्रधनुष अंतर्गत ५.४६ कोटी भुरगी आणि १.३२ कोटी गर्भवती बायलांक लसीकरण केले.  संयुक्त राष्ट्रांच्या मातृ मृत्युदर अंदाज इंटर-एजन्सी ग्रुपच्या अहवालाप्रमाण भारतात माता मृत्युदरात ८६ टक्के घट जाल्या, जी जागतिक सरासरी ४८ टक्क्यांच्या घटापरस जवळजवळ दुप्पट आसा

राजनाथ 45

**संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी म्हणला की, ऑपरेशन सिंदूर वेळार दाखयल्ले शौर्य आणि देशांतर्गत उपकरणांच्या क्षमतेचे प्रदर्शन हाका लागुन स्वदेशी उत्पादनांची जागतिक मागणी आनीक वाडल्या. ताणी म्हणले की, जग देशाच्या संरक्षण क्षेत्राकडे नवीन आदरान पळयता नवी दिल्लीत संरक्षण लेखा विभाग (डीएडी)च्या नियंत्रकांच्या परिषदेत ते उलयताले. Byte def**

संरक्षणमंत्री राजनाथ सिंग हाणी डीएडीचे व्हिजन डॉक्युमेंट, मिशन स्टेटमेंट, नवीन बोधवाक्य, मार्केट इंटेलिजेंस रिपोर्ट २०२५ ची दुसरी आवृत्ती आणि सुधारित संरक्षण लेखा संहिताचे प्रकाशन केले. विभागाचे नवीन बोधवाक्य 'सतर्क, चपळ, अनुकूल' चे कौतुक केले आणि हे फक्त शब्द ना तर आजच्या वेगान.विकसित जावपी संरक्षण वातावरणात आवश्यक आशिल्या कार्य संस्कृतीचे प्रतिबिंब आसा अशे नमूद केले.   Byte fin

ट्रम्प 50

अमेरिकेचे अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी जपान आनी दक्षिण कोरियांतल्यान आयात केल्ल्या वस्तूंचेर 1 ऑगस्टा सावन 25 टक्के कर लावपाची घोशणा केल्या.आयज डझनभर देशांच्या फुडाऱ्यांक पत्रां धाडटलो अशें ट्रम्प हांणी सांगले. अमेरिकेच्या अध्यक्षान हो निर्णय आपल्या सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्म ट्रूथ सोशलाचेर जाहीर केलो, थंय तांनी दरेका देशाच्या फुडाऱ्यांक धाडिल्ल्या पत्रांची प्रती पोस्ट केल्या.

पुरी 60

भारताची तज्ञताय भारताची उर्जा क्षमता सुदारपाक आनी वाडोवपाक वापरपाक मेळची म्हणून भारत नॉर्वेंत वेगवेगळ्या प्रकल्पांचो सोद घेता अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलां. ताणें नॉर्वेच्या बर्गेन हांगाच्या नॉर्दन लायट्स सीओ 2 टर्मिनलाक भेट दिवन हायड्रोकार्बना खातीर खोल दर्यांत संशोधन करप, खास करून नॉर्वेच्या उर्जा वेवसायिकांनी खोल दर्यांत संशोधन करप अशा तंत्रगिन्यानाचेर भासाभास केली अशे सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांच्या माळेंत पुरी हांणी सांगलें

अमरनाथ 40

आज श्री अमरनाथजी यात्रेचो सवो दीस. ह्या म्हयन्याच्या 3 तारखेक सुरू जाल्ली वर्सुकी 38 दिसांची श्री अमरनाथजी यात्रा दक्षिण काश्मीरांतल्या अनंतनाग जिल्ह्यांतलें नुनवान पहलगाम बेस कॅम्प आनी मध्य काश्मीरांतल्या गंदरबाल जिल्ह्यांतलें बाल्टाल बेस कॅम्प - दोन मार्गांतल्यान सुरळीत आनी अखंडपणान चालू आसा.

**CRICKET - 40**

क्रिकेटांत भारताच्या 19 वर्सां सकयल्या पंगडान इंग्लंडा आड 5 मॅचींच्या युवा एका दिसाच्या खेळामाळेंत 3-2 अशे जैत जोडले. माळेच्या 5 व्या आनी निमाण्या एका दिसाच्या खेळांत द काउंटी मैदानाचेर इंग्लंडान भारताक 7 विकेटींनी हारयले. पूण आयुष म्हात्रेच्या फुडारपणा खालच्या भारतीय पंगडाक ही मालिका जिखपाक येस आयलें.
IMD 45

भारतिय हवामान खात्यान आयज छत्तीसगढ, उदेंत राजस्थान, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, ओडिशा, पंजाब, तेलंगणा, उत्तराखंड आनी विदर्भ हांगा काय सुवातिणी पावस पडपाचो अदमास काडला. फुडले चार दीस अस्तंत दर्यादेगे सयत देशाच्या वायव्य भागात व्हड ते खूब घोंगयाणी पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.